# हातमाग आनी टेक्स्टायल तंत्रज्ञान अभ्यासक्रमाखातीर गोंयकारांक राखीव जागे

ता.8 मे 2018
18 वैशाख 1940

भारत सरकाराच्या टेक्स्टायल मंत्रालयाच्या हातमाग विकास आयूक्ताच्या कार्यालयान भारतीय हातमाग तंत्रज्ञान संस्था, सालेम-तामिळनाडू, भारतीय हातमाग तंत्रज्ञान संस्था कन्नूर-केरळ आनी कर्नाटक हातमाग तंत्रज्ञान संस्था, गदग-कर्नाटक ह्या संस्थातल्या हातमाग आनी टेक्स्टायल तंत्रज्ञानातल्या तीन वर्साच्या पदवीका अभ्यासक्रम प्रवेशाखातीर गोंय राज्याखातीर प्रत्येकी एक जागो राखीव दवरिल्लो आसा.

ह्या अभ्यासक्रम प्रवेशाखातीर उमेदवार गोंयात 15 वर्सा राबीतो करपी आसपाक जाय आनी इग्लीश विशयासयत शालांत वा तत्सम परीक्षा उत्तीर्ण आसपाक जाय. 1 जूलय 2018 दिसा सर्व सामान्य वर्गातल्या उमेदवाराची पिराय 15 ते 22 वर्सा जाल्यार एससी/एसटी उमेदवाराची पिराय 15 ते 25 वर्सा आसपाक जाय.

निवड जाल्ल्या उमेदवाराक तीन वर्सांमेरेन प्रत्येक वर्साच्या 10 म्हयन्याखातीर प्रत्येकी 1000/-, 1100/- आनी 1200/- विद्यावेतन दितले.

इत्सूक उमेदवारानी विहित नमून्यातले अर्ज आनी चड म्हायतीखातीर तांत्रिकी अधिकारी, हस्तकला, टेक्स्टायल आनी कॉयर हस्तकला प्रकल्प नेवगीनगर पणजी-गोंय हांगा (फोन नं. 0832-2226153) संपर्क करचो. पुराय भरिल्ले अर्ज ता. 9 जून 2018 मेरेन सुपूर्द करपाक जाय.